**स्वातंत्र्य सैनिक पेडणेकर हांच्या मरणाचेर मुख्यमंत्र्यान दुख्ख उक्तायले**

ता. 26 जुलय 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी नामनेचे स्वातंत्र्य सैनिक श्री. चंद्रकांत पेडणेकर हांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायला. पेडणेकर आयज सकाळी संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 82 वर्सां आशिल्ली.

श्री. पेडणेकर गोंय स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे आदले अध्यक्ष आशिल्लें.

आमचे म्हान स्वातंत्र्य सैनिक पेडणेकर हांच्या मरणाची खबर आयकून खूप दुख्ख जाता. ते एक म्हान सुटके जुझारी आशिल्लें. तांणी गोंय मुक्ती चळवळीत म्हत्वाची भुमिका निभायली. तांच्या योगदानाचो गोंयकार आनी खास करून तरणाटी पिळगीं सदाच उगडास करतली, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

डॉ. सावंत हांणी तांच्या दुखेस्त कुटुंबाक आपल्यो सहानुभूती कळयल्यात.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/617

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji